02. 04.2025 @ 7.20 pm

- मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी मंत्रालयांत कोमुनिदाद समितीचे अध्यक्ष तशेंच हेर वांगड्यां कडेन वेगवेगळया विशयांचेर चर्चा केली.
- 6 तारखेक भाजपाच्या स्थापणूक दीसा निमतान वेगवेगळयो कार्यावळी जाहीर केल्यात.
- वक्फ (सुधारणा) विधेयक २०२५ आज लोकसभेत विचाराक आणि मंजुरी खतिर केंद्रीय अल्पसंख्याक व्यवहार मंत्री किरेन रिजिज्जू हाणी मांडले
- गोंय शालांत मंडळान १ एप्रिल सावन पुनर्मूल्यांकन वा फेरतपासणी खातीर अर्ज करूंक आपले पोर्टल उक्ते केलां

गणेश 120

कोमुनिदादींचें कामकाज सुरळीत चलोवपा खातीर पुराय वेळ प्रशासका सयत हेर कर्मचाऱ्यांची भरती बेगीनूच जातली. कोमुनिदादींचें संगणकीकरण करपाची प्रक्रीयाय बेगीनूच सुरू जातली अशी म्हायती मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी दिली. ताणी मंत्रालयांत कोमुनिदाद समितीचे अध्यक्ष तशेंच हेर वांगड्यां कडेन वेगवेगळया विशयांचेर चर्चा केली. शिवोलीची आमदार दिलायला लोबो हणीय आपल्यो समस्या मांडलयो . कोमुनिदादीच्यो समस्या मांडपाच्या हेतान ते मुखेलमंत्र्यां कडेन चर्चे खातीर आयिल्ले. कोमुनिदादीं खातीर पुराय वेळ प्रशासकाची गरज आसा. कोमुनिदाद प्रशासकाकडेन हेर खात्यांचो ताबो आसता. सदचीं कागदपत्रां तशेंच कामकाज पळोवपा खातीर कर्मचाऱ्यांचीय गरज आसता. कोमुनिदादीं खातीर कर्मचाऱ्यांची भरती करतले. संगणक, प्रिंटर तशेंच हेर गरजेचें समान उपलब्ध करतले. कॉम्प्युटर ऑपरेटरची नेमणूक करतले. कोमुनिदादींचे कामकाज सुरळीत चलोवपा खातीर संगणकीकरण जावपाची गरज आसा. हाका लागून कागदपत्रां आनी हेर तपशील सुरक्षीत दवरप शक्य जातलें. कोमुनिदादींचें संगणकीकरण करपाची प्रक्रीया सुरू जातली, अशें मुखेलमंत्री डॉ. सावंत हांणी बसके उपरांत सांगलें.

भाजपाचो स्थापणूक दीस 6 तारखेक आसा, आनी ह्या निमतान वेगवेगळयो  कार्यावळी जाहीर केल्यात. हाका लागून आयोजित केल्या मुखेल कार्यकर्त्यांच्या मेळाव्यात मंत्री आनी आमदारांनी मार्गदर्शन केले  भाजपा प्रदेशध्यक्ष दामू नायक, भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे, उदका संसाधन मंत्री सुभाष शिरोडकर, महसूल मंत्री बाबूश मोनसेरात , कृशी मंत्री रवी नायक, समाज कल्याण मंत्री सुभाष फाल्देसाय, कला आनी संस्कृती मंत्री गोविंद गावडे हजर आशीलले. आदी कार्यकर्त्यांक वक्फ विधेयक तशेंच एक राष्ट्र, एक वेंचणूक हांचे विशीं मार्गदर्शन केलें. रॅली उपरांत पत्रकार परिशदेंत उलयतना दामू नायक हांणी सांगलें, भाजपाची थापणूक 6 एप्रिल 1980 दिसा जाली.हाका 45 वर्सां पुराय जालीं. 7 ते 12 एप्रील मेरेन गांव चलो अभियान चालीक लायतले. ह्या वेळार नवे आनी पोरने कार्यकर्ते एकठांय येतले. सगळेकडेन नितळसाण मोहीम राबयतले. घटनेचे शिल्पकार डॉ.बाबासाहेब आंबेडकर जयंती दिसचीय कार्यावळ घडोवन हाडटले . अटल बिहारी वाजपेयी हाची जन्मशताब्दी. तंचो सहवास लाभलेल्या तशेच त्यांच्या वांगडा काम केल्या पोरण्या कार्यकर्त्यांच्या फोटोंचे प्रदर्शन लायतले.. याच दिसा  राजस्थान दिनय  मनयतले.ह्या निमतान  पंदरा दीस वेगवेगळयो कार्यावळी घडोवन हाडटात. हे खातीर वेगवेगळयो समित्योय वेंचून काडल्यात. राम नवमी 6 तारखेक आशीलल्यान हयो कार्यावळी  6 आनी 7 तारखेक दोन दिस जातली. 6 तारखेक पक्षाचे ध्वजारोहण,कार्यालयांनी रोषणाई आनी मिठाई वाटप, गावागावांत कार्यकर्त्यांच्या घरांर झेंडे आनी 'बीजेपी फॉर विकसित भारत  या हॅशटॅगन सोशल मीडियार सेल्फी घालप ८ तरखेक दक्षिण गोव्यात आनी  ९ तारकेक  उत्तर गोव्यात मेळून ३७५० सक्रिय कार्यकर्त्यांचे मेळावे जातले.

राजेश 190

दरवर्षाप्रमाण  दिवचल तालुक्यात अंदू वर्सा काजू उत्पादन तशेच काजूचे पीक खुप कमी प्रमाणात आयिल्यान काजूचे पीक घेवपी शेतकामत्यामधी तशेच काजू-बागातदारांमदी हुस्क्याचें वातावरण निर्माण जाला .दिवचल तालुक्यात दरवर्सा साधारण फेब्रुवारी ते मे या चार महिन्यात काजूचे पीक व्यवस्थित प्रमाणात मेळटाले .मात अंदू एप्रिल महिनो लागलों तरी काजूचे पिक दर वर्षाच्या तुलनेत 50 टक्के पेक्षा कमी आयिल्यान काजूचे पीक घेवपी शेतकामत्यांनी  हुसको उक्तायला . फुडलो मे म्हयनो हो काजू पिकाचो निमाणो म्हयनो आसा

आनि मार्च एप्रिल या महिन्यात काजूचे पीक मोठ्या प्रमाणात येता.मात अधी मधी पडपी पाऊस ,थंडी ,आनी विचित्र हवामानाक लागून अंदू वर्सा काजूच्या पिकाचे प्रमाण कमी आयला. वायट हवामानाक लागून चंवर आयिल्लो काजी दवाक लागून पिडयार जाल्यो. हे विषयी काजूचे पीक घेवपी साखळी वाटारातले एक शेतकरी रमाकांत वझरेकर हाणीं सांगले की वाईट हवामानाचो विपरीत परिणाम काजू उत्पादनाचेर जाल्यान अंदु वर्सा काजूचे पीक फाटल्या दहा वर्षांच्या तुलनेत खूप कमीआयला .हे खातिर गोय सरकारच्या शेतकी खात्यान आर्थिक पालोव दीवपाची गरज आसा. दिवचल तालुक्यात साखळी, नार्वे ,मुळगाव, मये कारापूर ,सर्वण, हरवळें, वीर्डी ,सुर्ला ,अमोणें, कुडणे ,नावेली ,वेळगें आनी पाळी या गावानी काजूचे पीक घेवपी शेतकारांची त्यांची व्हड संख्या आसा आनी अंदु वर्सा वर्षाच्या तुलनेत काजूचे पीक खूप कमी प्रमाणात अयिल्यान काजूचे पीक घेवपी या सगळया शेतकामत्यांनी हुस्कॊ परगटायलां.

Rashmi 50

दक्षिण गोंयचे खासदार कॅप्टन विरियाटो फर्नांडीस हाणी संसदेंत दिल्ल्या दर्या देगेवेल्या जहाज येरादारी विधेयक 2024 विशीं हुस्को उक्तायलो आनी विधेयक उणें पडटा अशा जायत्या वाठारांचेर भर दिलो आनी सुदारणा करपा खातीर सुचोवण्यो मांडल्यो. दर्यादिगेवेल्या जहाज उद्देगांत वाड आनी टिकावूपण वाडोवपा वांगडाच थळाव्या भागधारकांक आदार दिवपी सक्रिय उपाय सरकारान करपाची गरज आसा हाचेर खासदार फर्नांडीस हांणी भर दिलो.

वकफ 200

संयुक्त संसदीय समितीन दिल्या वृत्ताप्रमाण, वक्फ (सुधारणा) विधेयक २०२५ आज लोकसभेत विचाराक आणि मंजुरी मांडले केंद्रीय अल्पसंख्याक व्यवहार मंत्री किरेन रिजिज्जू हाणी हे विधेयक मांडले आणि म्हणले की, या विधेयकाचो मुस्लिमांच्या धार्मिक प्रथेकडे कसलोच संबंध ना आणि ते फक्त वक्फ बोर्डांकडे संबंधित मालमत्तेकडे संबंधित आसा ताणो म्हणले की, सरकार वक्फ बोर्डांक सर्वसमावेशक आणि धर्मनिरपेक्ष करपाक इत्सुक आसा. त्यांनी अशेय म्हणले की, हो कायदो मशिदीच्या व्यवस्थापना खातीर ना. मंत्र्यन म्हणले

की, सध्याच्या विधेयकाप्रमाण, वक्फ बोर्डांत वेगवेगळे मुस्लिम पंथ, बायलां गैर-मुस्लिम आणि हेरांचे प्रतिनिधित्व आसतले. त्यांनी विरोधकांचेर या विधेयकावेल्यान लोकांची दिशाभूल केल्याचो आरोप केलो. ताणी म्हणले की, २०१३ त यूपीएच्या काळात वक्फ कायद्यात सुधारणा केल्ली ज्याचो हेर कायद्यांचेर व्हड परिणाम झालो. काँग्रेसच्या काळात दिल्लीतील प्रमुख क्षेत्रातली एकूण १२३ मालमत्ता दिल्ली वक्फ बोर्डाकडे हस्तांतरित केल्ली. त्यांनी मुखार सांगले की, संयुक्त संसदीय समितीन तशेच सरकारान कायदो तयार करताना भागधारकांकडे व्यापक सल्लामसलत केली.

Byte रिजिजू

चर्चा सुरू करतना काँग्रेसीचे गौरव गोगोय हांणी ह्या विधेयकाचेर सरकारान लोकांक चुकीcho मार्ग दाखयला असो आरोप केलो. हें विधेयक संविधाना आड आसा अशें तांणी म्हळे. ह्या विधेयकांतल्यान सरकार संविधान दुबळें करपाक, अल्पसंख्यांकांची बदनामी करपाक आनी भारतीय समाजांत फूट घालपाक सोदता असो आरोप तांणी केला. विरोधकांक जाप दितना केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी सांगलें की मंत्रीमंडळान मान्य केल्ल्या संयुक्त संसदीय समितीन सविस्तर चर्चा करून हें विधेयक हाडलां.

DIP 30

04 एप्रील 2025 दिसा mathani Saldanha प्रशासकीय संकुल, मडगाव रूम क्रमांक 404, चवथ्या माळयार जावपाची आशिल्ली कागाळ निवारण बसका अपरिहार्य कारणांक लागून रद्द केल्या अशी म्हायती कायदो आनी न्यायवेवस्था मंत्री अलेक्सियो सेक्केरा हांच्या कार्यालयान दिल्या.

सुभाष 100

गोंय शालांत मंडळान १२ वेचो निकाल जाहीर केले उपरांत आता १ एप्रिल सावन पुनर्मूल्यांकन वा फेरतपासणी खातीर अर्ज करूंक आपले पोर्टल उक्ते केलां. ज्या विद्यार्थ्याक आपल्या पेपराची फोटोकॉपी पळोवपाची आसा तांका दर विषयाक ३५०/ - रुपया शुल्क भरून तसो अर्ज पाच एप्रिल मेरेन करचो पडटलो. पेपराच्या फेरतपासणी खातीर दर पेपरा फाटल्यान सातशे रुपया भरून १२ एप्रिल अर्ज करपाची मेकळीक आसा. आपल्या उत्तर पत्रिकेची फोटो कॉपी पळोवन समाधान जावंक ना आनी आपल्याक चड गुण मेळू येता अशें

दिसत जाल्यारच त्या विद्यार्थ्यान फेरतपासणी खातीर अर्ज करचो आनी मंडळाचो आनी आपलो वेळ वाटोवचो अशें आवाहन मंडळाचे अध्यक्ष भगीरथ शेट्ये हांणी केला. गोंय शालांत मंडळाची १२ वेची पुरवणी परीक्षा २१ एप्रिलाक जातली.

तापमान 40

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान34.3 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 26.4 डिग्री सेल्सिअस आनी हवेतली आर्द्रता 73 % नोंद जाला. राज्यात फुडले चार दिस 35-25अंश सेल्सिअस  तापमान आसतले . राज्यात चड करून तापमान सुके आसतले पुन काय सुवतिनि पावस पडू येता असो अदमास वेधशाळेन उक्तायला

सुशांत 190

रस्त्या कुशीक उब्यो आशिल्ल्यो बेवारशी गाडयांचे समस्येक लागून येरादारीक आडखळ निर्माण जाता. तशेंच मान्सूनचे फाटभूंयेर रोग पातळपाचीय शक्यताय आसा तशेच अपघाताक कारण जातात. हे विशीं वास्को आनी मडगांव शारांतल्या येरादारी पुलिसांनी जिल्लोधिकाऱ्यांक अहवाल सादर केल्लो. ते प्रमाण आता मडगांवच्यो ५५ आनी वास्कोच्यो ६० बेवारशी गाडयो काडपाचे आदेश जारी केल्यात. स म्हयन्यांत गाडी धनयांनी आपलें वाहन काडूंक ना जाल्यार तें जप्त करपाची कारवाय करतले. दक्षीण गोंय जिल्लोधिकारी एग्ना क्लिटस हांचे कडल्यान बेवारशी वाहनांच्या समस्यांचो आढावो घेतिल्लो. मडगांव येरादारी पुलीस निरीक्षक संजय दळवी हांण दक्षीण गोंय जिल्लोधिकाऱ्यांक मार्च म्हयन्यांत साद केल्ल्या अहवालांत हाउसिंग सोसायटी, हॉटेल्स आनी रेस्टॉरंट, हॉस्पिटल, बँकां लागसारा बेवारशी आनी भंगारांतलीं वाहनां उबीं केल्यांत. जाल्यार वास्कोचे येरादारी पुलीस निरीक्षक शैलेश नार्वेकार हांणीय जिल्लोधिकारी कार्यालयांत सादर केल्ल्या अहवालांत दुचाकी, गाडी अशीं सुमार ६० वाहनां बेवारशी स्थितींत आशिल्ल्याचें दाखोवन दिलां. ह्या वाहनांत उदक

सांठल्यार जळारां जावन दुयेसां पातळपाचीय शक्यताय आशिल्ल्यान ह्यो गाडयो काडपाची चड गरज आसा. हाका लागून जिल्लोधिकाऱ्यांनी स म्हयन्यांच्या काळांत ह्या वाहन चालकांनी गाडयो काडूंक ना जाल्यार सरकार त्यो जप्त करतलें आनी ताचे उपरांत गाडयांचेर दावो करपाक मेळचो ना, अशे निर्देश जारी केल्यात. अशे तरेच्या गाडयांची वळेरी मडगांव आनी वास्को उपजिल्लोधिकारी कार्यालयांत लायल्यात. हे वळेरेंत जांच्यो गाडयो आसतल्यो तांणी उपजिल्लोधिकारी कार्यालयांत कागदपत्रां सादर करचीं अशेंय सांगलें.

आनी इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपलयो अंकह्यो मुखावेलयो प्रादेशिक खबरो तुमका आयकुक मेलटलयो फालया सकाळी 7.25 नमस्कार